Panaji Regional 14th August 2025 7.25am

CM – 50

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी केंद्रीय गृहमंत्री आनी सहकार मंत्री अमित शाह हांची काल नवी दिल्लींत भेट घेतली. गोंय अनुसुचीत जमाती राजकी आरक्षण विधेयक संमत जाल्ल्या खातीर मुखेलमंत्र्यांनी उपकार मानले. म्हजे घर येवजन आणि राज्याच्या विकासा खातीर हेर साबार प्रमुख उपक्रम सुरू करपाखातीर मुखेलमंत्र्यांनी सप्टेंबरात गोय भेटेर येवपाचे आमंत्रण शाह हांका दिले.

Ganesh - 60

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री आनी भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष जे पी नड्डा हांची काल नवी दिल्लींत भेट घेतली. गोंय अनुसुचीत जमातीं राजकी आरक्षण विधेयक संसदेंत संमत जाल्ल्या खातीर मुख्यमंत्र्यान उपकार मानले. गोंय वैजकी म्हाविद्यालया खातीर 50 अतिरिक्त एमबीबीएस जाग्याचो प्रस्ताव बेगीन पुराय करपा खातीर मुख्यमंत्र्यान तांचो आदार मागलो, जो प्रस्ताव हे पयलींच राष्ट्रीय वैजकी आयोगा कडेन सादर केला.

RASHMI 90

तिरंगाच्या इतिहासाची म्हायती दीवपी प्रदर्शनाचें काल पुरातत्व खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले हर घर तिरंगा मोहिमेचो एक भाग म्हण पुरातत्व संचालनालयान 13

ऑगस्ट ते 15 ऑगस्ट मेरेन संस्कृति भवन पाट्टो पणजी हांगा तिरंगाच्या इतिहासाचेर हे खाशेलें प्रदर्शन घडोवन हाडला **BYTE**

इतलेमजगती गोंय येरादारी खात्यान काल पणजे शारात मोटरसायकल पायलट तशेंच पर्यटक टॅक्सी ड्रायवरांच्या जोडपालवान खासा रॅली काडली.ह्यावेळार तांणी वंदे मातरम तशेंच भारत माता की जय अशो घोशणा दील्यो. जाल्यार गोंय भारतीय जनता पार्टीच्या बायला मोर्चान हर घर तिरंगा ह्या उपक्रमाचोच भाग म्हण शहीद प्रतीमा स्वच्चता उपक्रमावरवी काल पणजे आझाद मैदानावेले हुतात्मा स्मारकाची स्वच्छता केली.

सुशांत 35

हर घर तिरंगा ह्या मोहिमेखाला मंगळारा आनी काल बुधवारा मडगाव तसेच नावेली ह्या सुवातींनी प्रभात फेरयो आनी हेर कार्यावळी जाल्यो. आज सांजवेळार अशीच एक तिरंगा यात्रा मडगाव पालिका उद्याना भोवतणी जातली अशें आयोजकांनी कळीत केला. दक्षिण गोंयांतल्या हेर वाठारांनी हे निमतान वेगवेगळ्यो कार्यावळी जावपाच्यो आसात.

सुशांत 65

दक्षिण गोंय जिल्हो पंचायतीक प्रशासकीय निधी म्हूण गोंय सरकारान साडेचार कोटी रुपया मंजूर केल्यात आनी ह्या निधीतलो कांय वांटो जिल्हा पंचायत कार्यालयाच्या सुदारणेखातीर वापरतले.

ही म्हायती दक्षिण गोंय जिल्हा पंचायतीची  अध्यक्ष अनिता थोरात हांणी  दिली.
थोरात हांचे यजमानकेखाला दक्षिण गोंय जिल्हो पंचायतीची  पयली बसका जाली. १५व्या वित्त आयोगाकडल्यान जिल्हा पंचायतीक अजून कांय रक्कम येवपाची बाकी आसा तीय रक्कम बेगोबेग मेळची ह्याखातीर प्रयत्न जातले अशें तांणी सांगलें.

DESK 20

आमदार जीत आरोलकर हाणी काल वट्ट 45 लाडली लक्ष्मी एवजणे च्या लावारथांक मंजूरी पत्रा भेटयली आनी उरील्ली रोखडीच 15 दिसाभितर दितले अशे सांगले.  **byte**

DIP 30

दर वर्सा प्रमाण पणजेतली मेनेझेस ब्रागांझा संस्था, स्वातंत्र्य दिसाच्या आदल्या दिसा आज दनपारां 3.30 वरांचेर  मेनेझेस ब्रागांजा संस्थेच्या  परिशद सभाघरांत "बहुभाषी कवी परिशद" (गोय - पातळेचेर) घडोवन हाडता. ह्या परिशदेंत राज्यांतले वेगवेगळे कवी वांटो घेतले.

Weather – 20

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 29 degrees celcius  आनी उण्यात उणे तापमान 24 degrees celcius इतले आसतले.

Sports – 40

गोंय सरकाराच्या खेळां आनी युवा वेव्हार खात्यान सत्तरी पांवड्यार घेतिल्ले 14 वर्सां पिराये खालचे चल्यांचे बॅडमिंटन सर्तींत केरी - सत्तरीच्या स्वामी विवेकानंद ज्ञानमंदीर विद्यालयान पयलो क्रमांक मेळयलो. हे सर्तींत सत्तरी म्हालांतल्या सगल्या सरकारी आनी खाजगी विद्यालयाच्या चल्यांनी वांटो घेतिल्लो.